**मुख्यमंत्र्यान उच्च पांवड्यार बसका घेवन  राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंचो नियाळ घेतलो**

ता. 13  मार्च 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंचेर देखरेख दवरपा खातीर मुख्य सचीव, नागरी पुरवण सचीव, एसएलसी, ओएमसी, जिल्हाधिकारी आनी तालुका नागरी पुरवण निरीक्षकांची बसका घेतली.

राज्यांत  जायतितलो घरगुती एलपीजी सिलिंडर सांठो आसून पेट्रोलिएम आनी सैमीक गॅस मंत्रालयाच्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण गिरायकांक ताची पुरवण करतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. तशेंच  एलपीजी सिलिंडर वितरणात पारदर्शकता राखपा खातीर सरकार वचनबद्द आसून लोकांनी भिवपाची वा काचाभूल जावपाची गरज ना.

नवीन घरगुती गॅस बुकिंग करपा खातीर फाटल्या बुकिंगेसावन  25  दिसांचो गॅप दवरला आनी ते खातीर गिरायकांनी फाटल्या डिलिव्हरी तारखेची याद दवरून 25  दिसांनी गॅस बुकिंग करचो, ताचे पयली बुकिंग केल्यार आपोआप बुकिंग रिजेक्ट जातले. गिरायकांनी फकत ऑनलायन बुकिंग करचे. लोकांनी बुकिंगे खातीर गॅस एजन्सीच्या कार्यालयांनी वचून थंय गर्दी करची न्हय. गिरायकांक गॅस बुकिंग आनी डिलिव्हरी तारखेची मॅसेज  मोबायलाचेर येतली. घरगुती एलपीजी सिलिंडर पुरवण सुरळीत जावपा खातीर गिरायकांनी वयली मार्गदर्शक तत्वां लक्षात दवरची.

म्हा /सप/    /  विगां/ 2026/178

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.